# विज्ञान एक्सप्रेस ट्रेन 11 जुलयाक गोंयात

ता. 6 जुलय 2017

15 आषाढ 1939

फिरत्या विज्ञान प्रदर्शनाची विज्ञान एक्सप्रेस ट्रेन ता. 11 जुलय 2017 दीसा वास्को रेल्वे स्टेशनार पावतली. केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय, पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालय, जैवतंत्रज्ञान मंत्रालय, रेल्वे मंत्रालय, भारतीय रानजीव संस्था आनी विक्रम ए. साराभाय कम्युनिटी विज्ञान केंद्राच्या जोडपालवान आयोजित करपात येवपी हे भव्यदिव्य अशें विज्ञान प्रदर्शन सबंद देशभरात फिरता आनी ह्या उपक्रमाची नोंद स वेळा लिम्का बुकात जाल्ली आसा.

पयल्या चार प्रदर्शनात संवसारातल्या विज्ञान तंत्रज्ञान संशोधनाचेर भर दिल्लो. पाचवे ते सातवे प्रदर्शन जैविक विविधताय विशयाचेर आधारीत आशिल्ले आनी ह्या वर्सचे प्रदर्शन हवामान बदल आनी उपाय ह्या संकल्पनेचेर आधारीत आसा.

विज्ञान एक्सप्रेस ट्रेनीक 16 डब्यांनी हवामान बदल, हवामान बदलाची कारणां आनी उपायांची माहिती दिवपी प्रदर्शन मांडला, जे विद्यार्थ्यी आनी शिक्षकांखातीर चड उपेगी आसा.